**थाराविक उत्सवांच्या दिसांनी रातची 10 ते 12 वरा मेरेन लाऊडस्पिकर वापरपाक मेकळीक**

ता. 6 मार्च 2025

पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान 2025 वर्साच्या थाराविक दिसांनी रातची 10.00 ते 12.00 वरा मजगती लाऊडस्पिकर वा भौशीक संबोधन उपकरणांचो वापर करपाक परवानगी दिवपी आदेश जारी केला.

4 मार्च कार्नव्हालाचो निमाणो दीस, 20 एप्रिल ईस्टराचो आदलो दीस, 28 ऑगस्ट गणेश चतुर्थी विसर्जनाचो दुसरो दीस आनी 31 ऑगस्ट गणेश चतुर्थी विसर्जनाचो पाचवो दीस, 6 सप्टेंबर अनंत चतुर्दशी, 1 ऑक्टोबर नवरात्रीचो निमाणो दीस, 19 ऑक्टोबर दिवाळीचो आदलो दीस, 21 आनी 22 नोव्हेंबर इफ्फी, 24 डिसेंबर नाताळाचो आदलो दीस आनी 28 ते 31 डिसेंबर नवें वर्स आदले दीस, ह्या सांस्कृतीक/धार्मिक उत्सवांच्या दिसां खातीर ही परवानगी आसतली.

संबंदीत ग्रामपंचायत, नगरपालिका, म्हापालिका वा गोंय राज्यांतल्या व्यक्तीन केल्ल्या अर्जा प्रमाण परवानगी दितले. आवाजाच्या प्रदुशणाचेर नियंत्रण दवरपा कातीर संबंदीत अधिकाऱ्यांची देखरेख आसतली. नेम मोडटल्यांचेर कायदेशीर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/207

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.